# गोंय क्रांतिदीस मनयलो

ता. 18 जून 2017

28 ज्येष्ठ 1939

गोंयची राज्यपाल डॉ.(श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांच्यावांगडा आयज हांगाच्या आझाद मैदानाचेर आयोजित गोंय क्रांतिदीस कार्यक्रमात गोंय मुक्ती चळवळीतल्या स्वातंत्र्य सैनिक आनी हुतात्म्यांक गोंयच्या लोकांवतीन आदरांजली ओपली.

राज्यपाल डॉ. (श्रीमती) मृदुला सिन्हा हांणी आपल्या उलोवपात गोंयच्या लोकांक गोंय क्रांतिदीसाची परबीं दिली आनी गोंय मुक्तीखातीर लढो दिल्ल्या स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो उगडास केलो.

राज्यपालान गोंय क्रांतिदीसाचे म्हत्व सांगून क्रांती म्हळ्यार समाजात शांतीकाय हांडप, अशें सांगले.

राज्यपालान गोंयच्या लोकांक स्वच्छ भारत अभियानाखातीर सरकारच्या यत्नांक सहकार्य करपाचो उलो मारलो. निरोगी जीण जगपाखातीर नितळसाण म्हत्वाची आशिल्ल्याचे राज्यपालान सांगले.

गोंयान मुक्ती उपरांत सगळ्या मळाचेर बरी प्रगती केल्ल्याचे सांगून राज्यपालान साधन सुविधाखातीर फकत सरकाराचेर निंबून न रावता लोकांनी उदरगतीच्या प्रक्रियेक योगदान दिवपाचो उलो मारलो.

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी शुध्द विचार आनी सकारात्मकतेची गरज उक्तावन अशें विचार आनी प्रयत्नातल्यान गोंयाक मुक्ती मेळप शक्य जाले, अशें सांगले.

मुख्यमंत्र्यान स्वातंत्र्य सैनिकांच्या त्यागाचो उगडास करून तांच्या यादीक आर्गां ओपली आनी लोकशाय वेवस्थेत सगळ्याकच विचार मांडपाचे स्वातंत्र्य आसा, पूण लोकांनी कायद्याच्या मर्यादेत रावन विचार मांडचे अशें सांगले.

गोंयाक सैमान भरभरून दिला आनी ह्या सैमाची राखण करपाक जाय. कोयराचे वेवस्थापन करपाखातीर सरकार बसगाड्यांनी लेगीत कोयरा पेटी दितले अशेंय तांणी सांगले.

मुख्यमंत्र्यान मयेच्या मालमत्तेचो प्रस्न सोडोपाविशी गोंय दमण आनी दिव स्वातंत्र्य संघटनेचे अध्यक्ष श्री. चंद्रकांत पेडणेकर हांणी केल्ल्या मागणीचो उल्लेख करून हो प्रस्न सोडोवपाचे उतर दिले.

श्री. चंद्रकांत पेडणेकर आनी गोवा स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. पांडुरंग कुंकळ्येकर हांणी मुक्ती चळवळीतल्या काय घडणूकांचे कथन केले.

पुलीस पंगडान हुतात्म्याक मानवंदना दिली. बाल भवनच्या भुरग्यांनी देशभक्ती गीता सादर केली.

कार्यक्रमाक महसूलमंत्री श्री. रोहन खंवटे, कला आनी संस्कृतीमंत्री श्री. गोविंद गावडे, मुख्य सचीव श्री. धर्मेंद्र शर्मा, सरकारी सचीव, पुलीस अधिकारी, सरकारी अधिकारी, स्वातंत्र्य सैनिक विद्यार्थ्यी आनी नागरीक मोठ्या संख्येन हजर आशिल्ले.

डॉ. दयानंद राव हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले.

त्या उपरांत गोंय, दमण आनी दिव स्वातंत्र्य सैनिक संघटनेचे अध्यक्ष श्री. चंद्रकांत पेडणेकर, उपाध्यक्ष श्री. सिरीश डायस आनी हेर स्वातंत्र्य सैनिकांनी आग्वाद किल्ल्याचेर क्रांतिकारी डॉ. राम मनोहर लोहियाक आर्गां ओपली.